# राज्यपाला हस्तूकीं गुड गव्हर्नन्स यात्रेचो शुभारंभ

ता. 21 डिसेंबर 2018
30 मार्गशीर्ष 1940

गोंयच्यो राज्यपाल डॉ.(श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी हालीच राजभवनार व्हिजन इंडिया फाऊंडेशन आयोजित गुड गव्हर्नन्स यात्रेचो बावटो दाखोवन शुभारंभ केलो.

यात्रेत सहभागी जाल्ल्या प्रतिनिधीकडेन संवाद साधतना डॉ. सिन्हा हांणी देशातल्या सरकारी कार्यपध्दतीविशीं जाणून घेवपाक इत्सूक आशिल्ल्या युवा प्रतिनिधी मंडळाकडेन संवाद साधपाक आपल्याक आनंद जाता म्हणपाचे सांगून हया यात्रेतल्यान तरणाटयाक देशभरातल्या धोरण तज्ञ आनी विचारवंताकडल्यान देशाचे योग्य व्हिजन जाणून घेवपाक मदत जातली अशें सांगले.

डॉ. सिन्हा हांणी फुडें म्हणले, प्रत्येक नागरीकाचो सर्वांगिण विकास हो गुड गव्हर्नन्स वेवस्थेचो उद्देश आसा आनी ताचो फायदो तळागाळातल्या लोकांमरेन पावपाक जाय. गुड गव्हर्नन्सच्या माध्यमातल्यान तांका साधनसुविधा उपलब्ध करून तांचे जीवनमान सुदारपाचे काम जावपाक जाय, अशेंय राज्यपालान म्हणले.

व्हिजन इंडिया फाऊंडेशनाचे संचालक श्री. कुमार शुभम हांणी जाणकारांकडल्यान उत्कृश्ट प्रशासन वेवस्था, धोरणात्मक प्रकल्प आनी येवजणो आनी हेर कार्यपध्दतीविशी शिकून घेवपाक इत्सूक तरणाटया खातीर ही यात्रा बरी संद आसा, अशें सांगले.

उपरांत शिश्टमंडळान गोंयचे डीजीपी ची भेट घेतली तशेंच साळगांवच्या कोयर प्रकल्पाकय भेट दिली.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1839